१२/12/2025 आकाशवाणी पणजी 7.20 pm

प्रादेशिक खबरो

<u>मुखेल खबरो</u>

- २० दिसेम्बेरक जावपी जिल्ह्यो पंचायत वेंचणुकेखातीर राजकी पक्षांचो प्रचार नेट घेता .
- गोंय राज्यातली डिजिटल मुळावी बांदावळ घटमूट करपा खातीर स्टारलिंक (स्पेसएक्स) चे वरिश्ठ बिझनेस ऑपरेशन्स लीड लॉरेन ड्रायर हांणी आयज मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांची पर्वरे मंत्रालयात भेट घेतली.
- आदले केंद्रीय संरक्षण मंत्री आनी गोंयचे मुख्यमंत्री सर्गेस्त मनोहर पर्रीकर हांच्या जयंती निमतान फाल्या मिरामार आशिल्या तांच्या स्मृती स्थळाचेर खाशेली कार्यावळ जातली.
- कोंकण मराठी परिशद, गोंय ह्या संस्थेचें २१ वें शेकोटी साहित्य सम्मेलन फाल्या आनी परां म्हापशां जातलें

20 तारखेक जावपी जिल्हो पंचायत वेंचणुकेत भारतीय जनता पार्टीन भाजपाचे 40 उमेदवार उबे केल्यात,जाल्यार भाजपाकडे युती आशील्ल्या मगो पक्षान 3 उमेदवार उबे केल्यात.हे खेरिज 7 अपक्ष उमेदवारांक भाजप आनी मगो पक्ष तेको दीतले अशी म्हायती भाजप प्रदेशाध्यक्ष दामोदर नायक हांणी आयज पणजे जाल्ल्या त्रकार परीशदेवेळर दीला. हे फावट भाजपान 80% नव्या मुखामळांक जिल्हो पंचायत वेचणुकेत संद दीला,जैत आमचीच जातली अशे ह्यावेळार दामोदर नायक हांणी म्हणला.

मगो आनी भाजप पक्षाची विचारसरणी जुळटा,हे फावट जिल्हो पंचायत वेंचणुकेत भाजप आनी मगो पक्षान उबे केल्ले उमदवार जैतीवंत जातले असो विस्वास मगो पक्षाचे अध्यक्ष दीपक ढवळीकार हांणी ह्यावेळार उलयतना व्यक्त केला.

मजगती ह्या वेंचणुके खातीर 50 मतदारसंघात 226 उमेदवार रिंगणात आसा. अर्ज फाटी घेवपाच्या दिसा 94 जाणांनी अर्ज फांटी घेतले. हाका लागून आता 226 उमेदवार आसा.

जिल्हो पंचायती खातीर 20 डिसेंबराक मतदान जावन 22 डिसेंबराक मतमेजणी जातली. उत्तर गोंयांत 25 जाल्या दक्षीण गोंयांत 25 मेळोन 50 मतदारसंघ आसा. उत्तर गोंयांत 111

जाल्यार दक्षीण गोंयांत 115 उमेदवार आसा. काँग्रेस, भाजप, आरजी, गोवा फॉरवर्ड, मगो या पक्षानी उमेदवार दवरल्या. सध्या उमेदवार तशेच राजकी पक्षांचो नेटान प्रचार सुरू आसा.

इतले मजगती जिल्हो पंचायत वेचणूकेंत दिवचल तालुक्यातल्यान चार मतदार संघातल्यान विंगड विंगड पक्षांचे मिळून वट्ट 15 उमेदवार वेंचणूक रिंगणात आसात .हातुत पाळी मतदारसंघातल्यान भाजपचे सुंदर नाईक आनी  काँग्रेसचे भानुदास सोननाईक यांच्यामदीं सरळ लढत जातली .कारापूर सर्वण जिल्हा पंचायत मतदार संघातल्यान अपक्ष उमेदवार म्हणून अजय प्रभू गावकर, अनिल नाईक ,भाजपचे  महेश सावंत ,आम आदमीचे वतीन मधुकर गावकर ,गोवा फॉरवर्ड चे स्वप्निल फडते हे उमेदवार रिंगणात आसा. मये मतदार संघातल्यान कुंदा मांजरेकर भाजपचे वतीन, राधिका कोरगावकर अपक्ष , राधिका कळंगुटकर ही गोवा फॉरवर्ड जाल्यार  परपेट डीसौजा  आम आदमी पक्षाचे उमेदवार आसात .लाटंबार्से जिल्हा पंचायत मतदार संघातल्यान भाजपच्या वतीने पद्माकर मळीक, अपक्ष  मेघश्याम रावत  आणि कृष्णाराव राणे तशेच आम आदमी पक्षाचे वतीने छाया नाईक हे उमेदवार वेचणूक रिंगणात आसात.

जिल्हो पंचायत वेंचणुकेचे उमेदवार कोण हे दोन दिसांआदी थारल्या उपरांत दक्षिण गोंयांत प्रचाराक नेट आयला. गोंयचे मुखेलमंत्री प्रमोद सावंत हांणी दक्षिण गोंयांतल्या कांय मतदारसंघांत वचून काल आनी आयज प्रचार केलो. जाल्यार आम आदमी पार्टीचे राष्ट्रीय निमंत्रक अरविंद केजरीवाल हांणीय दक्षिण गोंयांत आयज सभा घेतल्यो. हेर पक्षांचे फुडारीय आपल्या उमेदवारांच्या प्रचारात सक्रीय जाल्यात.
मुखेलमंत्री प्रमोद सावंत हांणी काल अडणे-केपे हांगा गिरदोलीचे भाजप उमेदवार गोकुळदास गावकर हांचेखातीर तसेच शेल्डेचे भाजप उमेदवार सिद्धार्थ गावस देसाय हांच्या प्रचार सभेत वांटो घेतलो. ह्यावेळार कुडचडेचे आमदार निलेश काब्राल तसेच आदले पालवी मुखेलमंत्री बाबू कवळेकार हाजीर आशिल्ले. आयज डाॅ. सावंत हांणी दवर्लीत सभा घेवन दवर्लीचे उमेदवार सत्यविजय नायक हांकां लोकांनी वेंचून दिवचे असो उलो मारलो.
गोंयांत आम अादमी पक्षाच्या उमेदवारांचाे प्रचार करपाखातीर अरविंद केजरीवाल हे गोंयांत आयिल्ले आसून काल ते गोंयांत पावले. आयज तांणी वेळ्ळी, केळशी आनी तिळामळ-केपे ह्या तीन सुवातींनी जाहीर सभा घेवन आपल्या उमेदवारांचो प्रचार केलो. गाेंयांत सक्षम पर्याय म्हूण आम अादमी पक्ष वंेचणुकेत देंवला अशें तांणी सांगलें. गाेंयच्यो आपच्यो प्रभारी आतिषी मार्लेना तसेच आमदार क्रूझ सिल्वा आनी वेंझी व्हिएगस हे ह्या सभांनी हाजीर आशिल्ले.

गाेवा फॉरवर्ड पक्षाचे अध्यक्ष आनी फातोड्डेचे आमदार विजय सरदेसाय हांणी काल राय हांगा तांच्या पक्षाच्यो उमेदवार इनासिना पिंटो हांच्या प्रचारात वांटो घेतलो. काँग्रेस, राष्ट्रवादी काँग्रेस शरद पवार गट, रेव्हयुलिशनरी गोवन्स पार्टी तसेच अपक्ष उमेदवारांनीय आपल्यापरीन प्रचार चालू करुन प्रचारात नेट हाडला.

स्टारलिंक (स्पेसएक्स) चे वरिश्ठ बिझनेस ऑपरेशन्स लीड  लॉरेन ड्रायर हांणी आयज मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांची पर्वरें मंत्रालयात भेट घेतली.ह्या वेळार  स्टारलिंकच्या अधिकाऱ्याचे शिश्टमंडळ हाजीर आशील्ले. ह्या भेटी वेळार म्हायती तंत्रगिन्यान आनी पर्यटन मंत्री  रोहन खंवटे तशेंच गोंय प्रशासनाचे वरिश्ठ अधिकारी हाजीर आशील्ले. गोंय राज्यातली  डिजिटल मुळावी बांदावळ घटमूट करपा खातीर आनी राज्यभरांत वेगान, विस्वासांत घेवपा सारकी जोडणी सक्षम करपा खातीर स्टारलिंकच्या गोंयांत प्रस्तावीत प्रवेशाविशीं ह्यावेळार भासभास  जाली.
स्पेसएक्स / स्टारलिंक सॅटेलाइट डिजिटल गोंयच्या दृश्टीकोनाक महत्वाची थारतली .खासा करून गोंयच्या गांवगिर्या वाठारात , दर्यादिगेवेल्या आनीनुस्तेमारी समुदायांक, शाळांक आनी भलायकी केंद्रांक उपग्रह आदारीत इंटरनॅट सेवा दीवपाच्या हेतान ही यंत्रणा काम करतली. तशेंच  ग्रामीण  डीजीटल जोडणी, डिजिटल  पर्यावरण यंत्रणा, भलायकी, शिक्षण, पर्यटन, दर्यावेल्यो साधन सुविधा, आनी आपत्ती वेवस्थापन अशा मुखेल क्षेत्रांनी ह्या यंत्रणेवरवी अत्याधुनिकपणा येतली अशे ह्या वेळार मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी म्हळा.

गोंय कला अकादेमीन आयोजीत केल्ल्या विद्यालयीन एकांकि सर्तींचे निकाल जाहीर जाल्यात. अंदूं मराठी, कोंकणी आनी इंग्लीश विभागांत ह्यो सर्ती जाल्यो.
कोंकणी विभागांत पीपल्स हायस्कुलाच्या ‘झेप’ एकांकिकेक , राजमाता पद्मावती राजे सौंदेकार हांच्या ‘खोले’ ह्या एकांकिकेक दुसरें इनाम मेळ्ळां, आनी निराकर विद्यालयाच्या ‘एकांकिकेक तिसरें इनाम मेळ्ळां. नंदन पै कुचेलकार आनी आर्णा नामशिकार हांकां अभिनया खातीर वैयक्तीक इनामां मेळ्ळयांत.
मराठी विभागांत पीपल्स हायस्कूल मळा पणजीच्या "महाद्वार" नाटकाक पयलें इनाम मेळ्ळां. वागळे हायस्कुल मंगेशीच्या "सावधान कोर्ट चालू आहे" ह्या नाटकाक दुसरें इनाम मेळ्ळां, जाल्यार शिक्षा सदन प्रियोळ "आवर्तन" ह्या एकांकिकेक तिसरें इनाम मेळ्ळां. अभिनया खातीर दादल्या बायल पंगडा खातीर अनुक्रमान ईशान देसाय आनी मेखला अध्यापक हांकां वैयक्तीक इनामां जाहीर जाल्यांत. इंग्लीश विभागांत राजमाता पद्मावती सौंदेकार शाळेच्या "उर्जा" नाटकाक पयलें इनाम मेळ्ळां. सनशाइन वर्ल्ड वाइल्ड स्कूल ओल्ड गोंयच्या "हु हेड अ

फॉल" ह्या एकांकिकेक दुसरें इनाम मेळ्ळां, जाल्यार भाटीकार मॉडेल हायस्कुलाच्या शी हु डेर टू ड्रीम" ह्या एकांकिकेक तिसरें इनाम मेळ्ळां. शायन आनी धनवी तामसे हांकां वैयक्तीक अभिनया खातीर इनामां मेळ्ळयांत.

कोंकण मराठी परिशद, गोंय ह्या संस्थेचें २१ वें शेकोटी साहित्य सम्मेलन फाल्या आनी परां म्हळ्यार शेनवार १३ आनी आयतार १४ डिसेंबराक म्हापशां जातलें. पयल्या दिसाची कार्यावळ श्री बोडगेश्वर संस्थानाच्या आवारांत जातली, जाल्यार दुसऱ्या दिसाची कार्यावळ श्री लक्ष्मीनारायण संस्थानाच्या सभाघरांत जातली.

ह्या संमेलनाक उद्घाटक कविता बोरकार, मुखेल सोयरो प्रा. विनय मडगांवकार हाजीर रावतले अशें आयोजकांनी कळीत केलां. ह्या साहित्य संमेलनांत वेगवेगळयो लाहित्यीक कार्यावळी, रांगोळी प्रदर्शन, पुस्तक प्रदर्शन, साहित्य महोत्सव, , संगीत कार्यावळ, वेगवेगळी कला प्रदर्शनां, आमंत्रित कवी परिशद, चाफा कवी परिशद, बौध्दिक सत्रां, साहित्य परिसंवाद, स्वता बरयल्ल्या साहित्याचें वाचन, उत्के परिसंवाद आनी हेर कार्यावळी जातल्यो

गोवा साने गुरुजी कथामाला आनी  सरकारचे कलां आनी संस्कृति खाते हांच्या जोडपालवान 14 तारखेक 38 वो अखिल गोवा शिक्षक पालक कथाकथन मेळावो दिवचल हांगसर जातलो. दनपारा अडीच वरांचे दिवचलच्या बाबा सावयकर सेवा ट्रस्ट सभाघर सोनार पेठ दिवचल हांगसर  हो मेळावो जातलो. या मेळाव्यात चढानचढ  शिक्षकांनी आनी पालिकानी वाटेकार जावचे अशें आवाहन प्रदेश साने गुरुजी कथामालेचे अध्यक्ष अशोक तीळवी हाणीं केला.

आदले केंद्रीय संरक्षण मंत्री आनी गोंयचे मुख्यमंत्री सर्गेस्त मनोहर पर्रीकर हांच्या जयंती निमतान फाल्या सकाळी 9.30 वरांचेर  मिरामार आशिल्या  तांच्या स्मृती स्थळाचेर खाशेली कार्यावळ  जातली. मिरामार आशिल्या तांच्या सामधीचेर  मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत  आनी हेर मानेस्त पुष्पचक्र अर्पण करून तांका  आर्गां ओपतले

पणजी वेधशाळेन नोंद केल्या प्रमाणआयज  पणजेत चडात चड तापमान ३3 .8औंश सेल्सिअस जाल्यार उण्यात उणे  तापमान १७.5  औंश  सेल्सिअस नोंद जाला.

दिवचल म्हालांतल्या कारापुर तीस्कवेल्या डॉक्टर केबी हेडगेवार विद्यामंदिरच्या दोन विद्यार्थ्यांची राष्ट्रीय दोरी उडी सर्तीखातीर गोंयच्या पंगडात निवड जाल्या. महाराष्ट्रतल्या अलिबागात जावपी राष्ट्रीय दोरी उडी सर्तीखातीर शौनक बाराजाणकर आनी रौनक घाडी या विद्यार्थ्यांचो आस्पाव आसा.

गोयच्च्या नऊ वर्स च्या प्रतिभाशाली बॅडमिंटनपटू अमायरा घुमटकर हिणे ११ वर्षां सकयल्या एकोव्या गटात राष्ट्रीय बॅडमिंटन सरतीत काश्य पदक जिखले